# राज्यपातळीवेलो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो

ता. 19 जानेवारी 2018
29पौष 1939

कांपाल-पणजीच्या गोंय खेळा प्राधिकरण मैदानाचेर ता. 26 जानेवारी 2018 दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर जावपी प्रजासत्ताक दीस सुवाळयात गोंयची राज्यपाल डॉ.(श्रीमती)मृदुला सिन्हा राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतली.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, मंत्री, विरोधीनेते, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, ॲडव्होकेट जनरल आनी हेर मानेस्त सुवाळयाक हजर रावतले.

राज्यपाल तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत लष्कर, नौदळ, पुलीस, गृहरक्षक, एनसीसी आनी शाळांतल्या भुरग्यांच्या संचलनाची पळोवणी करून गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतली. हया वेळार राज्यपालाहस्तूकीं वेगवेगळे पुरस्कार भेटयतले. त्याउपरांत बालभवन आनी हेर शाळांतल्या भुरग्यांचो सांस्कृतिक कार्यक्रम जातलो.

तशेंच फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी प्रजासत्ताक दीस सुवाळयात भौशिक बांदकाममंत्री श्री.सुदीन ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले. मडगांवा जावपी प्रजासत्ताक दीस सुवाळयात नगरनियोजनमंत्री श्री. विजय सरदेसाय, म्हापशें शार उदरगतमंत्री श्री. फ्रांसिस डिसौझा, वास्को पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, सांगे आमदार श्री. प्रसाद गावकर, काणकोण आमदार श्री. इजिदोर फर्नांडिस, पेडणे पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, केपे आमदार श्री. निलेश काब्राल, दिवचल सभापती श्री. प्रमोद सावंत, धारबांदोडा आमदार श्री. दिपक प्रभू पाऊसकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

सांजेच्या 5.00 वरांचेर राजभवनार येवकार सुवाळो जातलो.